# राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्याचेर बसकेत चर्चा

ता.4 एप्रिल 2018
14 चैत्र 1940

राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्याच्या अंमलबजावणीखातीर नियुक्त केल्ल्या उत्तर गोंय जिल्हो देखरेख समितीची पयली बसका आयज उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन हांच्या यजमानकेखाला उत्तर गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयात जाली. बसकेत कायद्याच्या अंमलबजावणीविशीच्या वेगवेगळया प्रस्नांचेर भासाभास जाली.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. महेश खोर्जुवेकर हांणी राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्याचो उद्देश स्पश्ट करतना लावधारकांक अन्नधान्याचे योग्यतरेन वितरण करपाखातीर खात्यावतीन करपात येवपी प्रयत्नाची माहिती करून दिली. राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा येवजणेखाला 15 वेगवेगळया वर्गातल्या लोकांक रेशनकार्डा दिल्यात अशें तांणी सांगले.

राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्याची राज्यभर यशस्वी अंमलबजावणी करपाखातीर सरकारी यंत्रणा कार्यरत आसात. बसकेत सवाय धान्य दुकानातल्यान वितरीत जावपी धान्याविशीच्यो कागाळी, रेशन कार्डस् आनी गरीबांक अन्नधान्य वितरणाच्या प्रस्नाचेरय भासाभास जाली.

बसकेक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार आनी हेर संबंदीत खात्यांचे अधिकारी हजर आशिल्ले.